27th July 2025 Panaji 7.25am

Regional News

Maan Ki Baat

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळया रेडिओ कार्यावळीचो 124वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी newsonair मोबायल अॅपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

Goa Governor – 160

गोंयचे नवे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी काल दोना पावला राजभवनाच्या नव्या दरबार हॉलांत आयोजीत सोपूतविधी सुवाळयांत पदाचो सोपूत घेतलो. मुंबय उच्च न्यायालयाचें मुखेल न्यायाधिश न्यायमूर्ती आलोक आराधे हांणी तांकां पदाचो सोपूत दिलो. सोपुतविधी सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय नागरी उड्डान मंत्री के. राममोहन नायडू, केंद्रीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक, राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे, गोंय मंत्रीमंडळातले वांगडी, खासदार, आमदार आनी हेर मानेस्त हाजिर आशिल्लें.

पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी राजकीय मळार अनेक पदांचेर वावर केल्लो आसून 2014 ते मार्च 2018 मेरेन ते प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या मंत्रीमंडळात केंद्रीय नागरी उड्डान मंत्री आशिल्लें. गोंयचें आदले राज्यपाल पी एस श्रीधरन पिल्लई हांच्या जाग्यार पुसापती अशोक गजपती राजू हांची नियुक्ती जाल्या.

गोंयचो राज्यपाल जावपाची संद म्हाका मेळळी म्हण हांव खोशी आसा,गोयच्या उदरगतीखातीर सरकार,प्रशासन आनी गोयकारां वांगडा काम करपाक म्हाका आवाडटले अशे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु हांणी ह्यावेळार म्हळें. (BYTE)

जाल्यार राज्यपालाचे राजनितीक मार्गदर्शन गोंय सरकाराक महत्वाचे थारतले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सोपुतविधी सुवाळो सोपल्या उपरांत पत्रकारांकडे उलयतना म्हणला.

Vijay Divas Goa

भारत सरकारच्या माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयाच्या केंद्रीय संचार ब्युरो,गोय हांच्या वतीन काल बांबोळे कुजिरातल्या डॉ. के. बी. हेडगेवार हायस्कूलात एक खासा कार्यावळ आयोजित करून कारगिल विजय दिस मनयलो. ह्या का्यक्रमांत 5 तंत्रीक प्रशिक्षण रेजिमेंट, बांबोळे कॅम्पचे मेजर आयुष पाठक मुखेल सोयरे आशिल्ले. ह्या वेळार मेजर आयुष पाठक हांणी उपस्थितांक उद्देशून उलोवप केलें. देशाक विकसीत भारताच्या ध्येया कडेन व्हरपाक विद्यार्थ्यांची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें तांणी सांगलें.

Subhash

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२० प्रभावीपणान चालीक लागतलें जाल्यार उच्च शिक्षण आनी वेवसायीक अभ्यासक्रमांतले बदल पालक, विद्यार्थी आनी शिक्षकांनी समजून घेवंचे पडटले अशें डॉन बॉस्को अभियांत्रिकी म्हाविद्यालयाच्यो प्राचार्य Dr. Neena पानंदीकार हांणी सांगलें. गोंय राज्य शिक्षक प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेन राज्यांतल्या उच्च माध्यमीक प्राचार्य आनी विज्ञान शिक्षकां खातीर आयोजीत केल्ले कार्यशाळेंत त्यो उलयताल्यो. फातोर्डेच्या डॉन बॉस्को अभियांत्रिकी महाविद्यालयाच्या परिशद सभाघरांत काल ही कार्यशाळा जाली. सांजवेळाच्या सत्रांत शिक्षकांक आनी प्राचार्यांक एआय साधनां विशीं मार्गदर्शन केलें.

Ganesh

चवथीक ‘राज्य महोत्सव’ म्हूण मान्यताय दिवची अशी मागणी गोमंतक मंदीर महासंघान मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांकां निवेदन सादर करून केल्या. हाचे पयली ताणी चवथीक ‘राज्य महोत्सव’ म्हूण मान्यताय दिवपाची मागणी करपी निवेदन वास्कोचे आमदार दाजी साळकार हांकां सादर केलें. तशेच निवेदन मंत्री सुभाष फळदेसाय हांकांय दिला. महाराष्ट्र सरकारान जशें चवथीक ‘राज्य महोत्सव’ जाहीर केला, तसो निर्णय गोंयांतूय घेवचो अशी मागणी निवेदनांत केल्या.

Weather

गोय वेधशाळे प्रमाण फाटल्या २४ वरांत राज्यांत नैऋत्य मॉन्सून सक्रिय आशिल्लो. चडशा सुवातींनी मध्यम पावस आनी कांय सुवातींनी घोग्यांनी पावस पडलो. गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 29 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 25 degrees celcius इतले आसतले.

## Sports

दुलीप करंड क्रिकेट सर्तींत दक्षीण विभागाचे प्रतिनिधित्व करपा खातीर गोंयच्या स्नेहल कवठणकाराची निवड जाली. काल पुडुचेरींत दक्षीण विभागाचो पंगड वेंचपा खातीर बसका जाली. हातूंत गोंय क्रिकेट संघटणेचे प्रतिनिधित्व धीरज नार्वेकारान केलें. गोंयचो अश्टतासांचो खेळगडो मोहित रेडकार हाका राखीव खेळगड्यां मदीं सुवात दिल्या.